## कला मनशाक मानसीक आनी आत्मिक आनंद दिता- श्री. चोडणकर

## कला-संस्कृती खात्याच्या वारली पेन्टींग कार्यशाळेचो समारोप

ता. 20 फेब्रुवारी 2020

पारंपारिक आनी कश्टकरी कलाकारांनी कसलीच आस्त न धरता कलेचो आनंद स्वता घेवपा वांगडाच आपल्या कलेचो आनंद दुसऱ्यांकय दिलो. आपल्या सदाच्या कश्टाच्या कामातल्यान शरीराक मानसीक आनी आत्मिक सुशेग घेवपाच्या उद्देशान तांणी आपल्या सृजनशील कुशळतायेन वेगवेगळ्यां कलाप्रकारांचो सोद घेतलो. तशेंच ती कला फुडल्या पिळगेमेरेन व्हरपाचे मोलादीक कार्य केले आनी तांतूतल्यानच नवीन कलेचो जल्म जालो. वारली चित्रकलाय वारली समाजाची चित्रकला आसा. ह्या पारंपारिक कलेक भरपूर मागणी आसून प्रशिक्षणार्थ्यांनी ह्या कलेचो बरो उपेग करून घेवचो, अशें ज्येश्ट गोंयकार चित्रकार आनी गोंय कला महाविद्यालयाचे आदले शिक्षक श्री. महेंद्र चोडणकर हांणी सांगले.

श्री. चोडणकर कला आनी संस्कृती खात्यान पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्र, उदयपूर हांच्या जोड पालवान आयोजीत वारली पेन्टींग कार्यशाळेच्या समारोप कार्यक्रमात उलयताले. कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. सगुण वेळीप, उपसंचालक श्री. अशोक परब, प्रशिक्षक श्री. अजितभाई चौधरी आनी तांचे सहाय्यक श्री. विनोदभाई चौधरी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

प्रशिक्षणार्थी श्रीमती सिमरन नाईक आनी श्रीमती गीता कामत हांणी कार्यशाळेविशीं आपले विचार व्यक्त केले.

उपसंचालक श्री. अशोक परब हांणी निमणे उपकार मानले तर श्री. प्रदीप नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/157

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA